०६.०१.२०२५ सकाळी ८.४० वरा

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयतारा गुजरातांतल्या सोमनाथ देवळाक भेट दितले.
- जर्मनीचे चान्सलर फ्रेडरिक मेर्झ 12 आनी 13 जानेवारीक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या आमंत्रणा प्रमाण भारताक भेट दितले.
- ऑपरेशन सिंदूर वेळार नॅशनल कॅडेट कोर्प (एनसीसी) हांणी तोखणायेची भुमिका साकारली अशें उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन हांणी म्हणला.
- कन्नड, तेलुगू, मलयाळम आनी ओडिया भाशांचेर उत्कृश्टताय केंद्रांनी विकसीत केल्लीं 41 साहित्यकृतींचे प्रकाशन आयज नवी दिल्लींत केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान करतले.
- संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी काल गोंयात प्रदूषण नियंत्रण जहाज समुद्र प्रतापचे उक्तावण केले.
- केंद्रीय पर्यावरण मंत्री भूपेंद्र यादव हाणी नवी दिल्लीत केंद्रीय प्रदूषण नियंत्रण मंडळाच्या नियाळ बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळले.
- भारतीय हवामान खात्यान मध्य प्रदेश आनी बिहारांत दाट ते सामके दाट धुके आसपाची शिटकावणी दिल्या.
- बॅडमिंटनांत दोन फावटीं ऑलिंपिक पदक जिखपी पीव्ही सिंधु आयज कुआलालंपूरांतल्या आक्सियाटा एरिना स्टेडियमांत जावपी मलेशिया उक्त्या 2026 बॅडमिंटन सर्तींत खेळतली.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयतारा गुजरातांतल्या सोमनाथ देवळाक भेट दितले. सोमनाथ स्वाभिमान पर्व निमतान वर्सभर वेगवेगळ्या कार्यावळीचे आयोजन केला. सोमनाथ देवळाचेर जाले पयल्या हल्ल्याक 1 हजार वर्सां जातात ते निमतान 8 ते 11 जानेवारी मेरेन जायत्यो आध्यात्मिक आनी समाजीक कार्यावळी घडोवन हाडटले.

फाटल्या हजारानी वर्सां सावन सोमनाथ देवळाचें अस्तित्व हे देशांतल्या अदम्य संस्कृतीक भावनाचें प्रतीक आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.

जर्मनीचे चान्सलर फ्रेडरिक मेर्झ 12 आनी 13 जानेवारीक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या आमंत्रणा प्रमाण भारताक भेट दितले. चान्सलर मेर्झ हांची ही भारतांतली पयली अधिकृत भेट आसतली. हे भेटी वेळार अहमदाबाद आनी बेंगळुरूक ते भेट दितले अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. प्रधानमंत्री 12 जानेवारीक अहमदाबादांत चान्सलर मेर्झ हांकां मेळटले. फाटल्या वर्सा 25 वर्सां पुराय जाल्ल्या भारत-जर्मनी धोरणात्मक भागीदारीच्या वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी जाल्ले प्रगतीचो नियाळ दोनूय फुडारी करतले. वेपार आनी गुंतवणूक, तंत्रगिन्यान, शिक्षण, कुशळटाय उदरगत आनी हालचाल ह्या मळार सहकार्य खोलायेन वाडोवप, तशेंच संरक्षण आनी सुरक्षा, विज्ञान, नवनिर्माण आनी संशोधन, पाचवी आनी शाश्वत उदरगत आनी दोनूय देशां मदलो लोकां मदलो संपर्क अशा मुखेल मळार सहकार मुखार व्हरपाचेर चर्चा करतले. प्रधानमंत्री मोदी आनी चान्सलर मेर्झ वेवसाय आनी उद्देग फुडाऱ्यां कडेन संवाद सादतले आनी प्रादेशिक आनी जागतीक म्हत्वाच्या प्रस्नांचेर मतांचे आदान-प्रदान करतले. दोनूय देशांतल्या लोकांच्या आनी व्यापक जागतीक समाजाच्या फायद्या खातीर फुडाराक आदारीत भागीदारी उबारपाची भारत आनी जर्मनीची सामायिक दृष्टिकोनाची पुष्टी करपाची संधी या दौऱ्याक लागून मेळतली.

ऑपरेशन सिंदूर वेळार नॅशनल कॅडेट कोर्प (एनसीसी) हांणी तोखणायेची भुमिका साकारली अशें उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन हांणी म्हणला. ताणी काल नवी दिल्लींत प्रजासत्ताक दिसा जाव्पी एनसीसी परेड कॅम्पाक मार्गदर्शन केलें. Byte (27)

राष्ट्र निर्मिती आनी समाजीक जापसालदारकेच्या मळार एनसीसी कॅडेट मुखार आसतले असो विस्वास ताणी उक्तायला.

कन्नड, तेलुगू, मलयाळम आनी ओडिया भाशांचेर उत्कृश्टताय केंद्रांनी विकसीत केल्लीं 41 साहित्यकृतींचे प्रकाशन आयज नवी दिल्लींत केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान करतले. केंद्रीय भारतीय भाशा संस्थेखाला ह्यो साहित्यकृती विकसीत केल्यात. तशेंच ह्या कार्यावळींत सेंट्रल इन्स्टिटट्यूट ऑफ क्लासिकल तमिळ कडल्यान तिरुक्कुराल भाशेच्या 45 भागांच्या सांकेतिक भाषेतल्या  अर्थविवरण मालिकेसयत  १३ पुस्तकांचेय प्रकाशन करतले. अभिजात भासांचो अभ्यास घटमूट करपाची आनी भारताचें गिरेस्त साहित्य दायज तिगोवन दवरपाची बान्दीलकाय हो उपक्रम दाखयता अशें शिक्षण मंत्रालयान सोशल मिडिया पोस्टांत म्हणला. ह्या उपक्रमाक लागून समकालीन विद्यार्थ्यांक समावेशक आनी अभिनव स्वरूपांतल्यान गिन्यान मेळटलें अशें मंत्रालयान म्हणला.

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी काल गोंयात प्रदूषण नियंत्रण जहाज समुद्र प्रतापचे उक्तावण केले.

देशाच्या सामुहीक संकल्पाचें आनी दर्यावेल्या आत्मविस्वासाचें प्रतीक म्हणून ह्या तारवाची संरक्षण मंत्र्यानी तोखणाय केली.

४,२०० टन वजनाच्या ह्या जहाजाचो वेग ताशी २२ नॉट्सपरस चड आसा आनी ते एका वेळार ६,००० नॉटिकल मैल प्रवास करूंक शकता. समुद्र प्रतापच्या आस्पावान भारतीय तटरक्षक दळाची कार्यक्षमता वाडटली आनी दर्या सुरक्षा, पर्यावरण संरक्षण आनी देशांतर्गत संरक्षण उत्पादनाक चालना मेळटली.

केंद्रीय पर्यावरण मंत्री भूपेंद्र यादव हाणी नवी दिल्लीत केंद्रीय प्रदूषण नियंत्रण मंडळाच्या नियाळ बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळले. विस्तारित उत्पादक जबाबदारी - ईपीआर पोर्टल आणि ईपीआर इलेक्ट्रॉनिक ट्रेडिंग प्लॅटफॉर्म हाचेर बसकेत चर्चा जाली अशे सोशल मीडिया पोस्टात यादव हाणी म्हणले.

प्लास्टिक, ई कोयर वा बॅटरीसारख्या उत्पादनांतल्यान जावपी कोयराचे व्यवस्थापन करपाक मार्गदर्शक तत्त्वांची प्रभावीपणान अंमलबजावणी कशी करची आणि तांचे पालन कशे करचे हाचेरूय ताणी भासाभास केली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला सरकार वर्तुळाकार अर्थव्यवस्थेक शाश्वत पृथ्वी खातीर धोरणाचे वैशिष्ट्य करपाक काम करता हाचेर ताणी उजवाड घालो. पर्यावरण, रान आणि हवामान बदल राज्यमंत्री कीर्ती वर्धन सिंह हेय बसकेक उपस्थित आशिल्ले.

भारतीय हवामान खात्यान मध्य प्रदेश आनी बिहारांत दाट ते सामके दाट धुके आसपाची शिटकावणी दिल्या. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण फुडले दोन ते तीन दीस उत्तर प्रदेश, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, राजस्थान, उप हिमालयन अस्तंत बंगाल, झारखंड, ओडिशा, छत्तीसगढ आनी भारताच्या उत्तर उदेंत वाठारांनी अशीच परिस्थिती उरतली. तशेंच हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब, मध्य प्रदेश, राजस्थान, बिहार, झारखंड, अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी छत्तीसगड हांचेर फाल्यां मेरेन शियेच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला. फुडल्या चार दिसांत वायव्य भारताचेर आनी फुडल्या दोन दिसांत मध्य आनी उदेंत भारताचेर उण्यांत उणें तापमान ल्हव ल्हव 2 ते 3 अंश सेल्सियस देंवपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, दिल्ली-एनसीआरांतल्या हवेचो दर्जो वायट वर्गांत चालूच आसा. केंद्रीय प्रदुशण नियंत्रण मंडळाच्या म्हणण्या प्रमाण आयज सकाळीं 7 मेरेन राष्ट्रीय राजधानीचो सरासरी हवेचो दर्जो निर्देशांक 286 जाला.

बॅडमिंटनांत दोन फावटीं ऑलिंपिक पदक जिखपी पीव्ही सिंधु आयज कुआलालंपूरांतल्या आक्सियाटा एरिना स्टेडियमांत जावपी मलेशिया उक्त्या 2026 बॅडमिंटन सर्तींत खेळतली. कुआलालंपूरांत जावपी भारताच्या बायलांच्या एकेरी खेळांत मालविका बांसोद आनी उन्नती हुड्डा हांचोय आस्पाव जातलो. दादल्यांच्या एकेरी सर्तींत पॅरिस 2024 उपांत्य फेरयेंत जैतीवंत लक्ष सेन आनी आयुष शेट्टी खेळटले. दादल्यांच्या दोटटी गटांत भारताचे दोन फावटीं संवसारीक सर्तींत कांस्य पदक जिखपी चिराग शेट्टी आनी सात्विकसैराज रॅंकिरेड्डी फुडारपण करतले.